स्पन्दन

प्रकाशक : केरळ कोंकणी अकादमी,कोची.

Date of Publication : 10 December 2025

अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य सम्मेळन विशेषांक

SPANDAN

Konkani Monthly Published by :

KERALA KONKANI ACADEMY (R)

18 / 535-A, GOKUL, Ayyappa Sevasangham Road,

PALLURUTHY, Kochi - 682 006

₹ 10

धा रुपया

स्पन्दन कोंकणी मासिका
प्रकाशक
केरळ कोंकणी अकादमी
कोची - 682 006

संपादक
शरतचंद्र शेणै

अध्यक्ष
पी.एन. कृष्णन
फोनः 9745472744

सरकार्यदर्शी
के. विश्वनाथन
फोनः 9946881486

कोशाधिकारी
प्रोफ. जी. मोहन रावु
फोनः 9446369771

प्रचार प्रसार
टी.आर. सदानंद भट
फोनः 6238795681

वांगडी
के. विजयन
फोनः 9496719324

*

प्रति : ₹ 10/-
वार्षिक : ₹ 150/-

स्पन्दन

SPANDAN Konkani Monthly
Published by **KERALA KONKANI ACADEMY** (R)
18/535 A, GOKUL
Ayyappa Sevasangham Road,
PALLURUTHY, Kochi - 682 006
Editor: spandankochi@gmail.com

खंड 14 अंक 12 डिसेंबर 2025

संपादकीय

नमस्कार. फाटल्या तीन वर्षांत ही मासिका उजवाडा आयली ना म्हणून गेल्या अंकांत आमी खबरां खातीर आनी श्रद्धांजली खातीर स्वल्प चड पानां उपयोग केलीं. सर्जनशील साहित्य पांच की स पानांत सीमित राबलें. उपरांतें आमगेल्या गांवांत अ. भा. कों. साहित्य सम्मेळन घडलें देखून ह्या अंकांत ताची खबर आनी माहिती दिवंचाक स्वल्प चड पानां उपयोग केल्यांय. तशी हे पावटीय सर्जनशील साहित्य उणें जाल्यां. जाल्यार आनी मुकार आमकां चड चड साहित्यकृती हांतूं उजवाडा हाडूंक साध्य जातलें. व्यत्यस्त आनी वैविध्यपूर्ण साहित्य उजवाडा हाडूंक आमचो यत्न आसा. ह्या कार्यांत सर्वय कोंकणी मोग्यांचो सहाय सहकार आमकां जाय. आमच्या तरुण विद्यार्थी जनांक कोंकणी वाचना कडेन आकर्षित करच्यो कृती तयार करूंक आमचे बरोवप्यांक आमी उलो मारताय. त्यो उपदेशात्मक आसूका म्हूण ना. जाल्यार मार्गदर्शन करपी आसूयात. विषय कसलेय आसूयात, पूण कृती सकारात्मक आसची म्हूण विनंती करताय.

२६वें अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य सम्मेळन, एर्नाकुळम

२०२५ नवंबर २२ शनिवारा सकाळीं सम्मेळनाचे अध्यक्ष धरून विद्यार्थी प्रतिनिधी मेरेन मेळून पंचवाद्यमेळ सहित घोषयात्रा जावन एर्नाकुळम, कलूरच्या 'अशोक भोंसलो' नगरींत (ए.जे. हाळ) पांवतना वेदीचेर स्वागतगीत गायन (जी.एस.एस.एस. महिळा विभाग, पळ्ळुरुत्ती) आरांबिलें. साहित्य अकादेमी पुरस्कार जैतवंत ज्येष्ठ कवी श्री माधव बोरकार (गोंय) ह्या सम्मेळनाचे मानादीक अध्यक्ष आशिल्ले. मुख्यातिथी आशिल्ले सरस्वती सम्मान विजेता मलयाळम कवी प्रभा वर्मा. विशिष्टातिथी म्हूण गोंय राजभास संचालनालय उपसंचालक श्री. अनिल सावंत उपस्थित आशिल्ले. सम्मेळनाच्या उक्तावण समारोहाक 'कवि के. अनन्त भट' वेदीचेर उपस्थित आशिल्ले इतर मानेस्त हे - श्री. टी.आर. सदानंद भट (स्वागत समिती अध्यक्ष), श्री. आनंद जी. कामत (स्वागत समिती कार्याध्यक्ष), श्री. चेतन आचार्य (अ.भा.कों.परिषद कार्याध्यक्ष) आनी श्रीमती स्नेहा सबनीस (अ.भा.कों.परिषद सरकार्यदर्शी). उक्तावण कार्यक्रमाचें सूत्रसंचालन श्री. अनंत अग्नी (गोंय) हांणी केलें.

ह्या वेळार साहित्य अकादेमी बालसाहित्य पुरस्कार जैतवंत श्रीमती नयना आडारकार आनी साहित्य अकादेमी अनुवाद पुरस्कार जैतवंत श्री. मिलिंद म्हामल हांचो सन्मान जालो. उपरांत जालेल्या पुस्तक प्रकाशन कार्यक्रमांत आषा नवीं पुस्तकां प्रकाशित जालीं. हांतूं आट पुस्तकां केरळच्या बरोवप्यालीं आशिल्लीं.

ह्या सम्मेळनांत गोंय, कर्णाटक, केरळ, महाराष्ट्र, आदी राज्यांतल्या खूब लोकांनी (सुमार ७००) वांटो घेतलो. जायत्या बरोवप्यांनी आपापल्यो सर्जनशील कृती (कथा / कविता) सादर केल्यो. जायत्या जाणकारांनी परिसंवाद, चर्चासत्र, आदींत सक्रिय भाग घेतलो. विषय आशिल्ले - (१) कोंकणी साहित्यांतले नवे प्रवाह (२) कोंकणी साहित्यांत इतिहासिक कादंबरी (३) कोंकणी साहित्याचो अणकार (४) कोंकणी पुस्तक प्रकाशना मुखावयलीं आव्हानां.

हाचे भायर सम्मेळनाच्या अध्यक्षां कडेन श्री. प्रसाद लोलयेंकार हांचो संवाद आशिल्लो. प्रोफ. भूषण भावे हांणी 'कोंकणी संस्कृतीच्या संदर्भांत होर्तूस इंदिकूस मलबारिकूस' ह्या विशया वयर माहितीपूर्ण उलोवप केलें.

कोंकणी भाषेक आनी साहित्याक दिलेल्या योगदानाचो उडगास करून 'पी. एस. अनंतनारायणन' प्रवेशदार, 'सुशीला भट आनी शिवानन्द शेणै' पुस्तक प्रदर्शन सुवात अशी नांवां आनी चित्रां प्रदर्शित केलेलीं. हांगा कोंकणी पुस्तकां विक्रीक मेळतालीं. राजहंस वितरण, संजना पब्लिकेशन्स, गोवा कोंकणी अकादेमी, कोंकणी भाशा मंडल (गोंय) हांगेलीं स्टाळां आशिल्लीं. पुस्तक प्रदर्शन समितीच्या स्टाळांत सुकृतींद्रा ओरियंटल रिसर्च इन्स्टिट्यूट, कोंकणी साहित्य अकादमी (केरळ), पी.जी. कामत फौंडेषन, आदी केरळच्या प्रकाशकांचीं आनी बरोवप्यांनी व्यक्तिगत रूपान दरलेलीं खूब कोंकणी पुस्तकां आशिल्लीं. केरळ कोंकणी अकादमीच्या 'स्पन्दन' मासिकेचें एक कौंटर बी आशिल्लें.

पी. जी. कामत, मारियो मिरांडा आनी वी.जे.पी. साल्दान्य हांची जन्मशती उडगास करून यादस्तिकांचेर तांचीं नांवां आनी चित्रां दवरलेलीं.

प्रथम दिसा सांजेच्या वेळार जालेल्या सांस्कृतीक कार्यक्रमांत गोंयच्या विद्यार्थ्यांनी एक नृत्य अवतरण केलें. श्री कुरुम्बा कोंकणी कलासांस्कारिक वेदीन कुडुंबी नृत्य फुगडो अवतरण केलें. एकमेळी कलाकेंद्रान एक सारी नृत्य अवतरण केलें आनी एक सान नाटक सादर केलें. 'श्रावण कुमार' नांवाच्या ह्या नाटकाची रचना श्रीमती मंजुळा देवी हांणी केल्या आनी गीत रचना / गायन हें श्री. रघूत्तमन आर. तथा श्री. अंडिक्कडवु सुरेश पै हांणी केल्यां.

समारोपाच्या वेळार योग्य आनी महत्वाचे जायते थाराव सर्वसम्मतीन

अध्यक्षालो संदेश

नमस्कार. मस्त वर्षां उपरातें अखिल भारतीय कोंकणी सम्मेळन आमगेले गांवांतु बरे रूपान चमकिलेल्यांतु आमकां सर्वांक होड संतोषु आनी अभिमानु आसा. हे पावटी हें सम्मेळन एर्नाकुळम गांवांतु दवरलेले खातीर अ.भा.कों. परिषदेक आमी धन्यवादु सांगताय. हें सम्मेळन चांग रूपान जावंचे खातीर हांगाचे जायते जनान तन मन धन अर्पण करून होड परिश्रम केला. तांकां सर्वांक हार्दिक अभिनंदन, आशंसा आनी धन्यवादु. हाजे निमित्तीं कोंकणी भाषेचे प्रवर्तनांक मुकारि चड उत्साह येवो अशी प्रार्थना करताय.

पी.एन. कृष्णन
अध्यक्ष
केरळ कोंकणी अकादमी, कोची

मान्य केले. समारोपाच्या कार्यक्रमांतूय श्री माधव बोरकार अध्यक्ष आशिल्ले. मुख्यातिथी आशिल्ले केरळ उच्च न्यायालयाचे न्यायाधीश श्री. एन. नगरेश. विशिष्टातिथी म्हूण नामनेचे साहित्यकार जयंत कैकिणी उपस्थित आशिल्ले. ह्या वेळार केरळच्या कांय कोंकणी प्रवर्तकांचो सन्मान जालो. सम्मेळनाच्या प्रती एक कार्यक्रमांतूय सूत्रसंचालन करूंक आनी आमंत्रितांक यादस्तिक भेटोवपाक म्हूण चडांत चड प्रवर्तकांक माचयेर आपोवन आयोजकांनी खूब बरें केलें.

आनी एक विशेष म्हळ्यार, इतर राज्यांतल्यान येवपी विद्यार्थी तथा सामान्य लोकां खातीर एक दिसाची भोंवडी 'कोची दर्शन' (नवंबर २१) आयोजित केली. हांतूं तिनशां भायर लोकांनी उमेदीन वांटो घेतलो. भोंवडेचे उपरांत पुराय प्रतिनिधींक अन्न महोत्सव जाता थंय पावयले.

कोंकणी अन्न महोत्सव

'दोरकन्स वानप्रस्था' आनी 'एकमेळी ग्रूप' हांणी संयुक्तपणान सुकृतींद्र ओरियंटल रिसर्च इन्स्टिट्यूट, कुत्तापाडी हांगा 'कोंकणी अन्न महोत्सव' घडोवन हाडलो. श्री. पषायिडम मोहनन नंपूतिरी हांणी उक्तावण केलेल्या ह्या कार्यक्रमांत श्री. एन. कांतकुमार अध्यक्ष आशिल्ले. ह्या वेळार श्री. डी.डी. नवीन कुमार, श्री. चेतन आचार्य, डॉ. जी. चंद्रशेखर प्रभू, श्री.एम.एन. मदन शेणै, श्री. वी. आर. रामचंद्रन, आदी मानेस्त उलयले. ह्या वेळार केरळचे 'कळरिप्पयटू' आयोधन कलेची प्रदर्शिनीय जाली. अ.भा.कों.सा.सम्मेळनांत वांटो घेवंक इतर राज्यांतल्यान आयिल्ल्यांनी ह्या महोत्सवाचो बरो आस्वाद घेतलो.

केरळ कोंकणी अकादमीचें पुरस्कारार्पण

उत्कृष्ट गद्यसाहित्या खातीर आशिल्लो अकादमीचो 'पंडरीनाथ भुवनेंद्र कोंकणी गद्यसाहित्य पुरस्कार २०२४' श्रीमती के. एन. चंद्रमणी हांका समर्पण केलो. एर्नाकुळम शारांत चालू आशिल्ल्या कोची आंतरराष्ट्रीय पुस्तकोत्सवाचे एक वेदीचेर पुरस्कारार्पण जालें. ह्या वेळार सोयरे म्हूण शरतचंद्र शेणै, प्रोफ. के.एन.आर. भट, प्रोफ. जी. मोहन रावु हे मानेस्त उपस्थित आशिल्ले. मानेस्त आर.रामानन्द प्रभू, श्रीमती. जया बालकृष्ण कामत हांणी अनुमोदन केलें. अकादमीचे सरकार्यदर्शी चंद्रबाबू यू. शेट्टी हांणी उपकार मानले. ह्या वेळार पुरस्कार विजेत्रीच्या घरकारांचीय उपस्थिती आशिल्ली.

कोंकणी साहित्य अकादमी (केरळ) हांणी घडयलेलीं कार्यक्रमां

* 'कोंकणी मिलन' कार्यक्रम नवंबर म्हयन्यांत त्रिपूणित्तुरा घडोवन हाडलो. टी.बी.संतोषकुमार हांणी उत्तावण केलो. इ.एस. राकेश पैच्या अध्यक्षपणार जालेल्या कार्यक्रमांत ज्येष्ठ साहित्यकार आर. एस. भास्कर हांणी मलयाळम भाषेंतल्यान अणकारिल्ल्या 'केळी घडाव' पुस्तकाचो परिचय, ताचेर चर्चा, कविता वाचन, बरोवप्यांचो आनी प्रवर्तकांचो सन्मान, आदी चल्लें. प्रोफ. जी. मोहन रावु, डी.डी. नवीन कुमार, के. विश्वनाथन आदी मानेस्त उलयले आनी आर. एस. भास्कर हांणी अणकारा विशीं विचार मांडले. ह्या वेळार 'पंडरीनाथ भुवनेंद्र साहित्य पुरस्कार' विजेत्री के. एन. चंद्रमणी हांचो सन्मान जालो.

* कृष्णाचो हांसो' ह्या पुस्तकाच्या कवराचें प्रकाशन जालें. सुकृतींद्रा इन्स्टिट्यूट हांगा घडोवन हाडिल्ल्या अन्न महोत्सवाच्या उत्तावण कार्यक्रामाच्या वेळार ही कार्यावळ जाली. श्री. कृष्ण नारायण नायक, गोश्रीपुर ह्या ज्येष्ठ साहित्यिकान मूळ मलयाळमांतल्यान केलेल्या कोंकणी अणकाराचें पुस्तक हें. ह्या वेळार मूळ पुस्तकाचे लेखक श्री. अनियन तलयाट्टुम्पिळ्ळी हांचो सन्मान बी जालो.

कोंकणी भाषा प्रचार सभा, कोची आनी कोंकणी केंद्र गोश्रीपूर हांणी संयुक्तपणान घडयलेलीं कार्यक्रमां

* दर म्हयन्यांत घडोवपी 'कोंकणी कविसंगम' कार्यक्रम नेमान घडोवन हाडलो. हांत सुमार पंदरा कवींनी आपापल्यो कविता सादर केल्यो.

* ह्या वर्षाचे 'सुशीला त्रिविक्रम भट स्मरणार्थ पुरस्कार' प्रदान करूंक २०२५ दिसेंबर ७ आयतारा कोचीच्या एन. गोवंद पै स्मारक पुस्तकालयाच्या सभाघरांत एक भव्य समारोह घडोवन हाडलो. श्री. जी. मोहन शेणैच्या अध्यक्षपणार जालेल्या ह्या कर्यावळींत श्री. जी. सन्नकुमार प्रभू मुख्यातिथी आशिल्ले. पुरस्कार विजते - श्रीमती श्रीकला सुखादिया कम्मत (साहित्यकृती), डॉ.पी.आर. हरीन्द्र शर्मा (भाषा सेवा), श्रीमती सरस्वती एस. प्रभू (कथा), श्री. उमेश टी. भट (कविता), श्री. ए. नारायण शेणै (विशेष सेवा) - हांकां ते ते पुरस्कार प्रदान केले. हे सगळे पुरस्कार स्वर्गीय सुशीला त्रिविक्रम भट हांगेल्या कुटुंबान आयोजित केल्याय. पुरस्कारदाचे उपरांतें टी.डी. प्रायमरी शाळेंतुल्या (कोची) विद्यार्थ्यांलें आकर्षक आनी हर्षदायक नृत्यावतरण आशिल्लें.

Ramesh R. Naik
Tel : +91 484 2212245

Karuvelipady : 97452 01545
9846550831
E-mail : sreebalajicurtains@gmail.com

SREE BALAJI
CURTAINS & FURNITURE

Near Chakkanatt Temple, West Karuvelipady - 682 005

BAJAJ EMI AVAILABLE

Curtain Works, Upholstory Works, Blind Works, Bamboo Curtains &
All kind of Furnishing Works & Repairs.
Aluminium Fabrication, Sintex Doors, Mosquite Netlon Works

ADITHYA BOOK CENTRE

P.T. Jacob Road, BTR Bhavan Junction,
Near Old Kannamaly Bus Stop,
Thoppumpady, Kochi - 682 005
Ph: 0484-4050153 , Mob: 90377 41117

DEALERS IN ALL KINDS OF
SCHOOL - COLLEGE BOOKS & STATIONERY

BRANCHES

Opp. S.D.P.Y. School Ground
Palluruthy Veli - 682006
Phone: 0484 2238187

Near Aquinas College Gate
Edakochi - 682010
Phone: 0484 2328605

(बालसाहित्य)

कोल्या काणी

[स्वर्गीय **वत्सला आर. शेणै** (१९२६-२०१०) हांगेलें हें जन्मशताब्दी वर्स (२०२५-२०२६) जावन आसा. तांची **'शतमानस्मृती'** म्हणून तांगेल्या बालकथासंग्रहांतुल्यान (शांतिवनाच्यो काणियो) ही एक सरस काणी आमी पुनप्रकाशित करताय. शांतिवनांतुल्या समस्त मृगांक सर्वथा संरक्षण करच्या 'वासु वोयदु' नांवाच्या बुदवंत वानराली काणी ही.]

एक दिसा छट जावनु शांतिवनांतुले मृगांनी एकि बोब आयकीली. रानांतु एकु दुष्टु कोल्लो पावला! तो एक चितळाक धोरनु वोडूनु घेवनु वता! रानांतु पळ्ळेली बोब वासु वोयदाले कानांतूय पावली. वोयदु होगी भायर देवलो. चितळाक कशीय कोरनु वांचोवंका. तें नंतणा रानांतु आयिल्ले ते दुष्ट कोल्याक दिवंशीय मारका. ना जाल्यारि तो आनिकय मृगांक धोरनु खातलो. वोयदान कीराक कोल्यालें घर सोदूक पेट्टेयलो. कीरु उबूनु एकेकल्या लागी वाट निमगूनु कोल्याले गुहे लागी पावलो. खंपाळे मोल्यार एक गुहेंतु तो कोल्लो चोणु वता कीरान दिकीलें.

ताणे परतून वोचूनु वोयदा लागी कायरीं सांगीलीं - 'ते दुष्ट कोल्या लागी चोवनु जावंका वचाक. ना जाल्यार तो वोयदाकय धरतलो!'

वोयदान सांगीलें - 'तें सग वाट आसा कीरा. आमगेले मित्र गांदार्ली मूस आसाय मू! तांकां उळदूं. ते सहाय करतले.'

तशी वोयदु आनी कीरु कोरनु गांदार्ली मुसांचे रानांतु पावले. तांचो नेता मूसु घूडाचे भायर भोवंतालो. ताजे लागी वासु वोयदान कायरें सांगीलें. वोयदाक सहायु कोरूक तयार जावनु नेता मूसु मित्रांकय घेवनु कोल्याले गुहेंतु गेल्लो.

वोयदान सांगिल्ले वरी मुसांनी उषार जावनु कोल्याक खोंचूक आरांभिलें. कोल्लो विडविडेवनु रानांतुल्यान तेक बडका धावलो. मुसांची खोंचि घेवनु सुजूनु दोळ्यांनी चोवंचाक जावनातिल्लें तो आड ऊड धावनु एक होळ्ळे पाषाणा फातराक धाडवूनु मोरनु पोळ्ळो.

दुष्टु कोल्लो मेल्लो म्हूण आयकूनु मृगां सग धावनु पावलीं. वोयदान गुहेंतु साकूनु चितळाक भायर देवंयलें. सगटांनीय वोयदाक उपकारु सांगीलो.

अ.भा.कों.सा.स.
स्वागत समितीचे
प्रधान वावुरपी

एर्नाकुळमांत जालेल्या अ.भा.कों. साहित्य सम्मेळनांत साहित्य सादर केलेले केरळचे बरोवपी / परिसंवादांनी वांटो घेवपी जाणकार

कथा सादर करपी

प्रोफ. जी. मोहन रावु (फुल्लकारी मामु)

प्रोफ. के.एन.आर. भट (चौगुल्यो संग्रहाचो संदेश)

श्री. गोकुलदास प्रभू (विध्वंसाचो वेळ)

कविता सादर करपी

श्रीमती माया पी.एस. (रान म्हाका परतून परतून कित्याक आपेयता)

श्री. एस. रामकृष्ण किणी (भोंवडी), श्रीमती कांचना बोस (आग्रहु)

श्री. ए.पी. भानुप्रकाश (आंब्या कालु), श्रीमती अंजली किणी (व्यक्ती)

श्री. के.एस. कृष्णकुमार (आवोयची भास)

डॉ. अनिता डी. किणी (वळकि)

श्री. आर. रामानंद प्रभू (बप्पा उडगासु, वियोगु)

श्री. आर. एस. भास्कर (एक मळब आसा)

श्री. शरतचंद्र शेणै (एक विनंती)

चर्चासत्र आनी परिसंवादांनी वांटो घेवपी जाणकार

* 'कोंकणी साहित्यांतले नवे प्रवाह' ह्या परिसंवादांत डॉ. पी.आर. हरीन्द्र शर्मान वांटो घेतलो. * 'कोंकणी साहित्याचो अणकार' ह्या परिसंवादांत श्री. आर. एस. भास्कर हांणी वांटो घेतलो. * 'कोंकणी पुस्तक प्रकाशना मुखावयलीं आव्हानां' ह्या चर्चासत्रांत श्री. पय्यनूर रमेश पै हांणी वांटो घेतलो.

* '**सूत्रसंचालन** - श्रीमती शोभा श्रीनिवास आनी श्री. एन. बालकृष्ण मल्ल्या हांणी वेगवेगल्या कार्यक्रमाचें सूत्रसंचालन केलें.

समारोपाच्या वेळार जांचो सन्मान जालो ते मानेस्त

श्री.पी.एन.कृष्णन (अध्यक्ष, केरळ कोंकणी अकादमी)

श्री.डी.डी. नवीन कुमार (वांगडी कार्यदर्शी, कोंकणी साहित्य अकादमी, केरळ)

श्री. एम.एन. मदन शेणै ('एकमेळी' कोर समितीचे वांगडी)

प्रोफ. के.एन.आर. भट (साक्षरता प्रवर्तन करपी कोंकणी शिक्षक)

स्वागत समिती

अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य सम्मेळन यशस्वी करचे खातीर केरळचे वेगवेगळे संस्थेंक मेळोवन एक स्वागत समितीक रूप दिलेलें. हे समितीचे अध्यक्ष श्री. टी. आर. सदानंद भट, कार्याध्यक्ष श्री. आनंद जी. कामत आनी सरकार्यदर्शी श्री. टी. एस. शरत कुमार, हांकां एकमतान वेंचिल्ले. कार्यनिर्वहणा खातीर वेगवेगळ्यो उपसमिती (अर्थ, राबितो, खाण जेवण, प्रसिद्धी, येरादारी, प्रतिनिधी नोंदणी, प्रदर्शन, सांस्कृतीक कार्यावळ, आदी) आनी एक उपदेशक समिती घडयली. उपसमितींक निमंत्रक तथा सहनिमंत्रक थारायले - श्री. डी.डी. नवीन कुमार, श्री. एम.एन. मदन शेणै, अड. डी.जी. सुरेश, श्री. वी. माधव पै, श्री. के.एस. कृष्णकुमार, श्री. बी. सदानंद शेणै, श्रीमती जे. रमा देवी, श्री. पी.जी. रमेश कामत, श्री. एस. रामकृष्ण किणी, श्री. के. रामचंद्र नायक, श्रीमती लक्ष्मी सुरेश, श्रीमती शोभा हरिदास, श्री. आर. रामानंद प्रभू, श्री. एम.वी. श्रीनिवास पै, प्रोफ. के.एन.आर. भट, श्रीमती माया पी.एस., आदी. उपदेशक समिती - श्री. आर.एस. भास्कर, श्री. पी.एन. कृष्णन, श्री. के. विश्वनाथन, श्री. के.एम. नारायण कामत, श्री. शरतचंद्र शेणै, आनी प्रोफ. जी. मोहन रावु.

(बालकविता)

बोक्कोडु

- श्रीकला सुखादिया कम्मत -

कोंबो रन्नांतु माल्घोडु
दोस्तु तग्गेल बोक्कोडु
बोक्कोडाल मत्यारि आयलो फोडु
दुक्कूं मत्ते जल्ले जोडु

वोय्दु जाव्न एत्त दिवोडु
भीतीन बोक्कडा तोंड कोडु
वोय्दान हळेने ओक्कद गोडु
दुक्कि ओच्चूं नंचीलो बोक्कोडु

विनम्र विनंती

केरळची ही एकमात्र कोंकणी मासिका 'स्पन्दन' चलोवनु व्होरचे खातीर कोंकणी भाषेचेर मोग आनी अभिमान आशिल्ले सर्वय जनांनी सर्वय तराचो सहाय, सहकार, संभावना, जायरात, आदी कृपया दींवका म्हूण आमी विनंती करताय. तुमचो सहाय अमूल्य आसा आनी त्या सहायाक, फाटिबलाक, आमी तुमकां हार्दिक धन्यवाद सांगताय.

बंधनांत जालेली पक्षी

- जया बालकृष्ण कामत -

पंजीर्या भितेरी बंधनांत जालेली पक्षी तं हांव एक पक्षी.
धनियाले इच्छेन जीवन कोरच्याक बंधनांत जालेली पक्षी.
खाणेय रक्षणेय मोचनय कशी कशी? धनियाले मन तकीत आसा
जन्म जन्मा कृत पाप-पुण्या फल जीव गणांत जन्मु मेळ्ता
दोनी पंखानी आक्रात्तू केल्यारीय जांवचीना भंजन साध्य
पंख क्षीण जावनु अशांत मनान बेसुकाच घुडामुल्याक
धनियाले इच्छेन जीवन केल्यारी प्रीती पांवतली धरारी
धनियाक मनां जावनु मोचन मेळ्यारी उड जावनु लक्ष्यारी पांवयात

सर्व जीवगणांक ऊर्जा दानान चैतन्य दिता आदित्य
गायत्री मंत्र आनी अनुबंध कर्मानी पूजन प्रत्यक्ष देवाक श्रेष्ट
प्रवृती कर्माक दीसु म्हणूयी विरामु कोरच्याक राती म्हणूयी
साठी घडियांक अर्ध अर्ध कोरनु योग क्षेम करता निस्वार्थ सेवेन
अदृश्य ब्रह्माचे आज्ञानुवर्तीक निस्वार्थ सेवेन वंदन कोर्या
कर्मपाशा बंध मोचन कोरनु शांती समाधान प्रार्थना कोर्या.

आजीक सत्तरि वर्षां फूडे केरळच्या एक महान मनशान दोन हजारां भायर कोंकणी म्हण्यो आनी पांचशें वाक्प्रचार पुंजावन तें सर्वय देवनागरीन अक्षरां प्रमाणें बरोवन दवरलें. **तो महान मनीश कोण**? (जानुवरी अंक पळयाय)

’स्पन्दन’ मासिकेची वर्सुकी वर्गणी वा आर्थिक सहाय **केरळ कोंकणी अकादमी**च्या बैंक खात्यांत भरून ताची माहिती तुमचो टपाल पत्तो आनी फोन नंबर सहित कृपया **WhatsApp** द्वारा आमकां पांवयाय.

Bank A/c Name: Kerala Konkani Academy
Bank A/c No: 43072010010882
Canara Bank, Cherlai, Kochi Branch
IFS Code: CNRB0014307
WhatsApp: 9446369771

Please Scan this code to Pay

मनोगत - **अंजली किणी हांचो कविता संग्रह**

२६व्या अ. भा. कों. साहित्य सम्मेळनाचे वेदीचेर (कवी के. अनन्त भट माची) प्रकाशित जालेल्या नव्या कविता संग्रहांतल्यो वेंचीक कविता. हांगेल्या आदल्या कविता संग्रहांक गोवा कोंकणी अकादमीचो साहित्य पुरस्कार आनी कोंकणी भाषा प्रचार सभेचो 'एन.एम.सरस्वती बाय साहित्य पुरस्कार' मेळ्ळा.

हांव कोण?

पंचभूत एकमेळि जावन
जालेलें शरीर वे हांव?
कि हांव कोण म्हणलेलें
परिचय दिता मेगेलें नांव?
शिकिल्ली विद्या, बरयिल्ली कविता
हांव म्हणल्यार हें सग की?
केलेलें पुण्य आनी पापाची सूची
म्हजी व्याख्या दिता भी?
हांव म्हणल्यार मन की
मनांत खेळचे विचार?
की हांव मनाचे भावनेंत
जालेलें एक आकार?
की हांव एक आत्मा
विना आदी आनी अंत?
उत्तर सोदून यात्रा म्हजी
मुखार सरता संत.

भूंय

आज व्हणतेचे पेळतांतले रूक
पडताय पळोवन मनांत दुःख
कालि रूक रुकावळ भरलेलें स्थान
आतां गोबोरु धुवोरु भरिल्लें श्मशान
फाय थंय येतलें वेगळें मकान
मरता प्रकृती वाड्‌डताय जन

जाल्यार हांव राबचे हे भूंयक
चांग चरित्र आसा एक
उजवाडांत चकचकेवंचें पाचवें तण
तांतु चरचे गाय बोकड्यां गण
सवण्यांले चिंवचिंव आनी निपून खेळु
वार्यांत मेळचो रेंवे परमळु

आतां पावलाचे पोंदाची रेंवय खोणली
रुकय रानय सग पिसुडलीं
आनी फाय आमकां पुरूक
आसतली वे भूंय?
लासूक राकूड वरतलें वे खंय?

व्यक्ती

हांव कशें दिसचें?
कितें न्हेसचें?
खंय वच्चें?
कितें खांवचें?
हें सग करपाक
हांव कोणाली अनुमती घेंवचें?

एक व्यक्ती हांव
मात्र शरीर न्हय
एक नांवान सीमित न्हय
भीतर एक आत्मा आसा
ताका लागून मन आसा
तांतु स्वतंत्र चलचे विचार आसय
हांव कितें करचें?
कितें घालचें?
कितें देखचें?
हें निर्णय करूक
बुद्धी आसा
युक्ती आसा
विवेचन करची शक्ती आसा
म्हजें एकेक उतर वेंचून
कर्म तोलून
टिप्पणी तुमी दित्तरी
कीटि उसळचो
एक उजो आसा
छिन्न भिन्न जांवचें
एक व्यक्तित्व आसा
म्हजान जांवचें
मनान दिसचें
हित आसचें
हांव तेंच करचें
कोण कितें समझता
कितें आठयता
कितें सांगता
हें कित्याक हांव चोंवचें?

मोगाची आजी

- सुरेश वी. शेणै

आजे.. आजे..
आज्ये होंटींतु काणी आयकून न्हिदेंवका
गुरबजेली काणी आयकून न्हिदेंवका
शेणाचें घर व्होळनु गेलेली
कायळ्याली काणी आयकूका, म्हाका
कायळ्याली काणी आयकूका (आजे..

गुरबजेन पिल्लांक झोळियांतु न्हिदावनु
म्हळोलो गींतु आयकूका
आज्जान भुज्जारि बेसोवनु म्हळोलो
कायळ्याचो गींतु आयकूका, म्हाका
कायळ्याचो गींतु आयकूका (आजे..

चांदीणें भरलेले आंगणांतु बेसूनु
बोबो देवाक आपोंवका
म्हांतारायेन भाजून दिलेले
दोनि चोण्या काणी आयकूका, म्हाका
दोनि चोण्या काणी आयकूका (आजे..

'स्पन्दन' मासिके खातीर तुमचीं गीतां, कविता, लघुकथा, लघु लेखनां, विनोद, अभिप्राय, प्रतिक्रिया, खबरो (कोंकणी भास, कला, नाटक आनी साहित्या संबंदी) आदी संपादकाक पांवयाय -

spandankochi@gmail.com

For enquiries regarding subscription please contact the office bearers of Kerala Konkani Academy (R) Kochi.

हातांत उरना कांय

- एन. बालकृष्ण मल्ल्या

नांवंय रूपंय येवनु गेलीं
कोणालें जालें ना कांय
हांव धरल्यार राबतलें वें?
हातांत उरना कांय
हातांत उरना कांय.

भूंयेर राज करूंक चोयले
खंय आसाय आतां ते राय?
सूव खोंबूक भूंय मेळली वे?
याद तांचे कोणा आसाय?
हातांत उरना कांय.

देवांनी असुरांनी युद्धां केलीं
अमृत मेळूंका जाय
अमर सदाच उरतले वे?
तांकांय मरूंका फाय
हातांत उरना कांय.

सुखाचे खातीर जियून मेलीं
पडले मू आंगार घाय
जीयूंक मरूका जाय वे?
सूण्या वरी जीयता काय?
हातांत उरना कांय.

नंदादीप

केरळच्या आद्यकालाच्या बरोवप्यांची वळख दिवपी अप्रूप साहित्यसंग्रह.
प्रकाशक : सुकृतीन्द्रा ओरियंटल रिसर्च इंस्टिट्यूट, एर्नाकुळम - 32

चेरडूं अनिक गायि

- एन. सदानन्द कामत

चोयि रे बाळा देरलांत राबिल्या
होडि धवि गायि
मात्यारि दोनि शिंगं
तजे खाल दोनि कान
तण खांवचाक होळें पोट
राबूक चारि पाय
गयेक दिताय तण
गायि दिता आमकां दूद

चोयि गे आवसू गाय वसूरांक
कितलो मोग करता
शिंगं हालोव्नु येता चोयल्यारि
म्हाका भय जाता
पेण्डि दी गे, निशें दी गे
मोगान आमगेले गायक
धार काळेलें दूद पिंवचाक
हांव चोव्नु राबिलां

धार काळेलें दूद कोडोव्नु
तुका पिंवचाक दितां
ताक घाण्डून लोणी काणु
तुका खांवचाक दितां
दूद आट्टोव्नु हांव तुका
दूदपेंटें कोरनु दितां
धायि दिसांक दुदा पायसु
कोरनु तुका वाडतां

*** इतिहासाचें एक पान ***

तिरुवितांकूर गौडसारस्वत ब्राह्मण परिषत आनी 'सारस्वतबोधिनी' मासिका

गोश्रीपुराची अम्मूलक्का शेणै (१८५१-१९०२) हांगेल्या पद्यकृतींक लागून केरळांत कोंकणी साहित्याचो उदय जालो. केरळांतल्या कोंकणी साहित्याचीं उदयकिरणां म्हणचीं तिगेलीं कीर्तनां आनी गीतांच.

मागीर दोन दशकां उपरांतें कोंकणी विशींचे जागृतायेचें एक नवें ल्हार आयलें. तिरुवितांकूर गौड सारस्वत ब्राह्मण परिषत म्हूण एक संस्था जन्माक आयली. हे परिषदेचो जन्म १९२३ वर्षा चेर्तला गांवांत भरिल्ल्या प्रथम सम्मेळनान जालो. त्या सम्मेळनांत कोडुंगल्लूर निवासी श्री. के. पत्मनाभ भटान (१८९०-१९५३) स्वता बरयलेली कोंकणी हरिकथा (प्रह्लादचरित) अवतरण केली. मागीर संस्थेचें मुखपत्र म्हणून एक म्हयनाळें (सारस्वतबोधिनी) नेमान उजवाडा येवूंक लागलें. तें पुण मलयाळम भाषेन आशिल्लें. १९२३ वर्षा ते मासिकेचे एक संचिकेंत पळ्ळिपुरम गांवांचे श्री. आर. सी. शर्मा (१८९७-१९८०) हान्नी एक लेखन बरयलें. 'नम्मुडे भाषा' (आमची भास) म्हळ्ळेले ते लेखनांत तान्नी खूब प्रभावी रूपान कोंकणी विशीं महत्वाचें उद्बोधन दिलें.

त्या वेळार प्रायेन केवल २६ वर्षांचे आशिल्ल्या तांगेल्या उद्बोधनाचो सामान्य परिणाम म्हळ्यार १९२४ वर्षा भरलेल्या परिषदेच्या दूसर्या सम्मेळनांत श्री. वी. श्रीनिवास नायक (ज. १८८५) ह्या म्हालगड्या मनशान एक थाराव अवतरण केलो. 'सारस्वत बोधिनी' मासिकेंत देवनागरींतले कोंकणी खातीर थोडीं पानां प्रति म्हयन्यांत आरक्षित दवरचीं म्हूण तो थाराव आशिल्लो. श्री.एन.कृष्ण कामतीन तेंको दिल्ल्या त्या थाराव्याचो सर्वसम्मतीन अंगीकार जालो. थाराव मलयाळम भाषेन आशिल्लो तरीय त्या सर्वय परिषतांनी अध्यक्ष भाषण सयत सगलीं कार्यक्रमां कोंकणीन जालेलीं. उल्लेखनीय कार्य म्हळ्यार उपरांतच्या कांय म्हयन्यांनी 'सारस्वत बोधिनी' मासिकेंत मलयाळम लिपी वापरून तरीय कांय काळांक कोंकणी साहित्य मुद्रित रूपान उजवाडा आयलें. 'गोंयकारांची गोंया भायली वसणूक' ह्या पुस्तकांत शणै गोंयबाबान ह्या परिषतांचो आनी ह्या थाराव्याचो विशेष उल्लेख केला.

(शरतचंद्र शेणैन संपादन केलेल्या 'नंदादीप' संग्रहाच्या आधारान तयार केलां.)

केरळांतुलें कोंकणी नाटक

सर्जनशील साहित्याचीं मूळां सोदलीं जाल्यार तीं आमकां लोकवेदांत मेळताय. कोंकणींतल्या कथा आनी कविता हांचीं मात्र न्हय, नाटकाचीं मूळां पर्यंत आमकां आमच्या लोकवेदांत मेळताय. केरळचें एक विख्यात कोंकणी लोकगीत आसा 'वळार'. हांतूं वेगवेगळीं पात्रां मुकार येताय आनी एकामेकां मदें संवाद चलता. त्या संवादांतुल्यान एक समाजिक फाटभूंय आनी एक कथाय प्रस्तुत जाता. एक कथा सांगतना तांतूं संवाद येवप सहज कार्य. जाल्यार संवादांतुल्यान कथा फुलता म्हण्टना तो गूण नाटकाचो! हो गूण 'वळार' सारक्या गीतांत मात्र न्हय, 'आत्ती आनी पित्ती' सारक्या काणियांतूंय थळथळेता. आधुनिक काळांत हीं बालनाटकांच्या रूपान वेदीर प्रस्तुत जालेलींय आसाय.

श्री. एस. रामकृष्ण किणी (एळमक्करा) हांणी संकलन केलेले माहिति प्रमाण स्वर्गीय सुशीला टी. भट हांच्या नेतृत्वार 'वळार' गीतनाटक कोचींत १९८९ वर्षा सादर जालें. श्रीमती पुष्पा मल्लन हांणी बरयल्लें 'वळार' गीतनाटक कोषिकोडांत २००९ वर्षा सादर जालें. 'आत्ती आनी पित्ती' गीतनाटक जी.एस.बी. बालकलाकेंद्रान पळ्ळुरुत्तींत २००० वर्षा सादर केलें. उपरांतें २०१४ साकून २०२४ पर्यंतच्या काळांत श्रीमती कलामंडलम सुगंधी हांच्या मार्गदर्शनांत नव्यान तयार केलेलें 'वळार' गीतनाटक श्रीमती इंदू एकनाथ पै, श्रीमती सरस्वती एस. प्रभू आनी श्री. एकनाथ वी. पै हांच्या नेतृत्वाचेर (गोश्री कलासंघ, कोची) केरळच्या आनी केरळा भायरच्या सुमार ३० वेदींचेर सादर करून विख्यात जालें. हांतूल्यान स्पष्ट जाता तें म्हळ्यार नाटक ह्या कलारूपाचीं मूळां ते ते भाषेच्या लोकवेदांत आसाय हें तथ्य.

एक सर्जनशील कथा घेवन केरळचे माचयेर सादर जालेलें प्रथम नाटक **'चंद्रहास'**. ताचे विशीं आनी केरळचे कोंकणी नाटकां विशीं श्री. किणी हांणी संकलन केलेली सविस्तर माहिती मुकार जानुवरी अंकांत साकून वाचूंया.

आलपुषा १९२४ - तिरुवितांकूर गौड सारस्वत ब्राह्मण परिषदेचें दूसरें सम्मेळन आलपुषा गांवांत घडिल्ल्या वेळार मान्य केलोलो विशेष थाराव मलयाळम भाषेन आशिल्लो. ताचें कोंकणी भाषांतर -

'स्वजनां मदें विद्या प्रचाराक स्वभाषेची अभिवृद्धी एक उत्तम मार्ग देखून 'सारस्वत बोधिनी' मासिकेंत उणेच स्थायार नागरी लिपींत कोंकणी भाषेचीं लेखनां दिवन आनी इतर मार्गान भाषेची अभिवृद्धी आठोवन परिश्रम करका अशी ही परिषत थारायता.'

अ.भा.कों. साहित्य सम्मेळन वेदीचेर स्वागतगीत प्रस्तुती
- जी.एस.एस.एस. महिळा विभाग, पळ्ळुरुत्ती.

अ.भा.कों. साहित्य सम्मेळन वेदीचेर केरळच्या कोंकणी प्रवर्तकांचो सन्मान

Reg. No. KERKON/2012/45527
SPANDAN Konkani Monthly
Vol. No. 14   Issue No. 12
₹10/-   Total Pages: 20

Registered KL/EKM/732/2021-23
License No: KL/CR/EKM/WPP-7/2021-23

Date of Publication: 10.12.2025

Printed and published by P. N. Krishnan on behalf of Kerala Konkani Academy (R)
18/535-A, GOKUL, Ayyappa Sevasangham Road, Palluruthy, Kochi - 682 006
Printed at Viani Printings, Lisie Junction, North Kaloor, Ernakulam - 682 018
Editor: Saratchandra Shenoi   Email: spandankochi@gmail.com